Panaji National

23 May 2026 6.30PM

## Rozgar Mela PM Modi

नागरिकांचें जिवीत सुदारपाक सरकारी नोकऱ्यो हें म्हत्वाचें साधन आसा हाचेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भर दिलो. आयज व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांवरवी 19व्या रोजगर मेलाक संबोधीत करतना तांणी म्हटलें

तशेंच प्रधानमंत्री मोदी हांणी वेगवेगळया सरकारी खात्यांनी नव्यान भरती जाल्ल्या लोकांक 51 हजारां वयर नेमणूक पत्रां वांटलीं.

## Bihar Government on NEET

बिहार सरकारान 21 जूनाक परतून जावपी NEET-UG परीक्षेच्या विद्यार्थ्यां खातीर राज्य येरादारी बस सेवेवरवी फुकट प्रवास दिवपाची घोशणा केल्या. राज्यांतल्या सगल्या नीट उमेदवारांक सरकारी बशींतल्यान फुकट प्रवास करपाक मेळटलो अशें मुखेलमंत्री सम्राट चौधरी हांणी सोशल मिडियाचेर केल्या पोस्टांत सांगलां. पेपर लीकाचो आरोप जाल्ल्यान ३ मेक जावपी ही परीक्षा रद्द जाल्ली, सध्या CBI कडल्यान ह्या प्रकरणाची चवकशी सुरु असा.

## Petrol Price Hike

देशांन आयज परतून पेट्रोल आनी डिझेलाची दर वाढ जाल्या. हे नवीन दर लिटराक 91 पैश्यान वाडल्यात. दिल्लींत पेट्रोलाचे दर 87 पयशांनी वाडून दर लिटराक 99.51 रुपया जाल्यार डिझेलाचे दर 91 पयशांनी वाडून दर लिटराक 92.49 रुपया जाल्यात. इराण संघर्श आनी होरमुझ स्ट्रेटन व्यत्यय आयिल्ल्यान संवसारीक कच्चया तेलाच्या दरांत व्हड प्रमाणांत वाड जाल्ल्यान देशांन ही दर वाड जाल्या.

## Piyush Goyal

संवसारीक अस्थिरतायेच्या काळांत लेगीत भारताची अर्थीक स्थिती घट आसा आनी निर्यातूय वाडत आसा अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी आयज सांगलें. संवसारीक परिस्थिती प्रतिकूल आसून लेगीत भारतीय अर्थवेवस्था मजबूत असा, जाल्यार वाडपी उत्पादन खर्चाकडल्यान शेतकारांक राखण दिवपा खातीर वाढलेल्या साऱ्याचो दर सरकारान आपल्याचेर घेतला अशेंय मंत्री गोयल हांणी सांगलें.

## Indian Oil

युद्धाक लागून होर्मुझ स्ट्रेटात गेले काय दिसासावन बरोच व्यत्यय येता. पयल्या 76 दिसांनी किरकोळ इंधनाच्या दरांत अर्थीक बदल करूंक नाशिल्ली भारत हीच संवसारांतली मुखेल अर्थवेवस्था थारला. मेळिल्ल्या म्हायतीप्रमाण रशिया-युक्रेन झुज आनी होर्मुझ स्ट्रेट बंद जाल्ल्यान भारताक तेलाच्या धोक्याचो सामना करचो पडला. सरकारान पेट्रोल आनी डिझेलाचेर केंद्रीय अबकारी कर चार पटींनी कापला. मजगतीं, रशिया-युक्रेन संघर्शाच्या काळांनूय किरकोळ इंधनाचे दर उणे करपी भारत हो संवसारांतलो एकमेव देश आशिल्लो.

## Announcement

ही आसा एक कळोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी ‘खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. अर्ज करपाची निमणी तारीख 1 जून २०२६ आसा. कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर आवाज योग्य आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी थारायल्ली फी भरची आनी ताची पावती जोडून आपलो अर्ज ‘हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी आल्तिन्हो पणजी, हांगा सादर करचो. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

## Weather

भारतीय हवामान खात्यान केरळांतल्या कांय सुवातींनी 27 मे मेरेन पावस पडपाचो अदमास काडला आनी राज्यांतल्या णव जिल्ह्यांनी यलो अलर्ट जारी केला. केरळ-कर्नाटक-लक्षद्वीप दर्यादिगेर नुस्तेमारांक ह्या म्हयन्याच्या 27 तारखे मेरेन दर्यांत वचपाचे न्हय असो सल्लो दिला.

इतले मजगती हवामान खात्यान मध्य प्रदेश, उत्तर प्रदेश आनी विदर्भांत खर उश्णताय ल्हारां येवपाची शिटकावणी दिल्या, जाल्यार फाल्यां मेरेन अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम ह्या वाठारांनी खूब व्हड पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

## Sports

आय पी एल क्रिकेट खेळांत आयज लखनऊ सुपर जायंन्टस ह्या पंगडाचो खेळ पंजाब किंग्स ह्या पंगडाआड जातलो. खेळ लखनौत भारतरत्न श्री अटल बिहारी वाजपेइ एकाना स्टेडीअमांत जातलो. हो खेळ सांजेच्या साडे सात वरांचेर सुरू जातलो.